# फोंडें विधानसभा पोटवेंचणुक मतदाना खातीर ईव्हीएम आनी व्हीव्हीपॅट मशिनां तयार

ता. 1 एप्रिल 2026

फोंडें विधानसभा- 21 पोटवेंचणुक मतदाना खातीर वापरपात येवपी ईव्हीएम आनी व्हीव्हीपॅट मशिनांची तपासणी आनी चालू करपाची प्रक्रिया पुर्ण करून सगळीं मशिनां स्ट्रॉंग रूमात दवरिल्ली आसा. वेंचणूक लडोवपी उमेदवारांची निमाणी यादी निश्चित जालें उपरांत आनी ईव्हीएम आनी व्हीव्हीपॅटांचें दुसरे रॅंडमायझेशन जालें उपरांत वेंचणूक अधिकाऱ्यान मतदान केंद्र प्रमाण मशिनां तयार दवरल्यात. ईव्हीएमांत मतपत्रीका, उमेदवारांची नावां, चिन्हां घालप आनी हेर प्रक्रिया वेंचणूक अधिकाऱ्यान काल पुर्ण केली.

ईव्हीएम आनी व्हीव्हीपॅटांची चालू करपाची प्रक्रिया आनी मॉकड्रिल राजकीय पक्षांच्या वेंचणूक एजंण्टांच्या उपस्थितीत जाली. वेंचणूक एजंण्टांनी मॉकड्रिल प्रक्रियेत वाटो घेतलो आनी निकालाचेय प्रात्यक्षीक पळयले. इलॅक्ट्रॉनिक व्होटिंग मशिना विशींच्यो सुचोवण्यो मॅन्युअलांत दिल्यात, ज्यो ईसीआय चे संकेतथळ https://www.eci.gov.in/evm-vvpat. चेर उपलब्ध आसा.

वेंचणूक आयोगाच्या सुरक्षा शिश्टाचारा प्रमाण स्ट्रॉंग रूमांत दवरिल्ली ईव्हीएम आनी व्हीव्हीपॅट मशिनां मतदानाच्या आदल्या दिसा मतदान पंगडा कडेन दिवपा खातीर उमेदवार/तांच्या प्रतिनिधींच्या उपस्थितीत स्ट्रॉंग रूमांतल्यान भायर काडटले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/371

--
-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.